## माहिती हक्क दीस मनयलो

## भौशीक म्हायती अधिकाऱ्यांनी मागिल्ली म्हायती दिवप गरजेची- पांगम

ता. 11 ऑक्टोबर 2024

म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयान गोंय राज्य माहिती आयोगाच्या सहकार्यान आयज पणजे मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमात "माहिती हक्क दीस" मनयलो. देशांत माहिती हक्क कायद्याची अंमलबजावणी जायत सावन दर वर्सा "माहिती हक्क दीस" मनयतात. कार्यक्रमाक सरकारी खातीं, महामंडळां आनी स्वायत्त संस्थांचे प्रथम अपेलेट अधिकारी मोठ्या संख्येन उपस्थित आशिल्लें.

राज्याचे एडव्होकेट जनरल देविदास पांगम हांचे हस्तुकीं कार्यावळीचें उक्तावण जाले. मुखेल म्हायती आयुक्त श्री. अरविंद कुमार एच. नायर, राज्य म्हायती आयुक्त श्री. आत्माराम आर. बर्वे, राज्य म्हायती आयोगाचे सचीव श्री. सुधीर केरकर आनी हेर मानेस्त कार्यावळीक उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार एडव्होकेट जनरल देविदास पांगम हांणी "माहिती हक्क कायद्याच्या अंमलबजावणीत पयल्या अपेलेट अधिकारीणीची भुमिका" ह्या विशयाचेर मार्गदर्शन केले. म्हायती हक्क कायद्याचो भारतीय संविधानात आस्पाव आसा आनी लोकशाय समाजात म्हायती हक्क हो प्रत्येक नागरिकाचो हक्क आसा, अशें तांणी सांगलें. म्हायती हक्क कायद्याचो इतिहास आनी उद्देश जाणून घेवप म्हत्वाचे आसा आनी कायद्यातल्या नेमाप्रमाण अर्जदाराक म्हायती दिवप आवश्यक आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

सरकारी धोरणां आनी येवजणांची म्हायती लोकांमेरेन पावची तशेंच सरकारी प्रशासनात पारदर्शकता येवची आनी सरकारच्या कारभाराविशीं लोकांमदी गैरसमज निर्माण जावचो न्हय, हे खातीर अर्जदाराक ह्या कायद्या खाला मागिल्ली म्हायती अचूक आनी वेळार दिवप ही भौशीक म्हायती अधिकाऱ्याची जापसालदारकी आसा, अशेंय पांगम हांणी सांगलें.

म्हायती हक्क कायद्यात पयल्या अपेलेट अधिकाऱ्याक चड अधिकार दिल्ले ना तरी तांणी आपली जबाबदारी वळखून अर्जदाराक म्हायती दिवपाक भौशीक म्हायती अधिकाऱ्याक आदेश दिवपाक जाय आनी गरज पडली जाल्या राज्य म्हायती आयोगा कडल्यान सल्लो घेवपाक जाय. अर्जदाराक कांय अपवादात्म कारणांखातीर म्हायती नाकारपाक जाता, पुण जी म्हायती विधानसभेच्या मायचेर मांडटात ती म्हायती भौशीक आसता आनी तशी म्हायती दिवपाक कसलीच हरकत ना. तशेंच अशी म्हायती सरकारी संकेतथळार उपलब्ध केली जाल्यार लोकांक म्हायती मेळोवपा खातीर अर्ज करपाची गरज पडची ना आनी म्हायती अधिकाऱ्यांचे काम कमी जातले, अशें तांणी सांगलें.

मुखेल म्हायती आयुक्त श्री. अरविंद कुमार एच. नायर हांणी म्हायती हक्क कायद्याचो उद्देश आनी पयल्या अपेलेट अधिकाऱ्याच्या जबाबदारीविशीं उलयतना सरकारी प्रशासनात पारदर्शकता हाडप आनी भ्रश्टाचाराक आळो घालप तशेंच नागरिकांक बरी सेवा दिवप हो ह्या कायद्याचो उद्देश आशिल्ल्याचें सांगलें.

आरटीआय कायद्याची अंमलबाजावणी करतना येवपी अडचणींचेर मात करपा खातीर भौशीक म्हायती अधिकाऱ्यांनी आपल्या कर्तव्या कडेन तत्परता दाखोवपाची गरज आशिल्ल्याचें सांगलें.

राज्य म्हायती आयुक्त श्री. आत्माराम आर. बर्वे हांणी येवकाराच्या भाशणात, लोकांक म्हायती हक्क कायद्याचे ज्ञान आनी उद्देश कळपा खातीर ह्या कायद्या विशींची म्हायती थळाव्या भाशेंत उपलब्ध करपाची गरज व्यक्त केली, जेणे करून लोकांक ह्या कायद्याचे म्हत्व बरे तरेन समजतले, अशें सांगलें. हो कायदो पारदर्शकता आनी तत्परतायेक प्रधान्य दिता, अशेंय तांणी सांगलें.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री दीपक बांदेकर हांणी निमाणे उपकार मानले. सहाय्यक म्हायती अधिकारी श्री. श्याम गांवकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/567

--

-------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.